# राज्यात शेती वेवसायाक प्रोत्साहन दिवपाक सरकार कटिबद्द आसा- उपमुख्यमंत्री

ता. 26 जानेवारी 2020

राज्यातल्या शेतकारांक वेगवेगळ्यो सुविधां आनी तंत्रज्ञान उपलब्ध करून राज्यात शेती वेवसायाक प्रोत्साहन दिवपाक सरकाराचे सतत प्रयत्न आसता. तशेंच गोंयातल्या युवकांक शेती वेवसायाकडेन वळोवपा खातीर राज्यात कृषी विद्यापिठ स्थापन करपाचोय सरकाराचो विचार आसा, अशें उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर हांणी आयज मडगांवां जिल्हा पावंड्यावयल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयले उपरांत उलयताना सांगले.

गोंय हे देशातले नेटान उदरगत करपी राज्य आसून राज्यान शिक्षण, भलायकी, उद्देग, सामाजीक आनी मुळाव्या साधनसुविधांच्या मळार भरीव उदरगत केल्या. सरकारान ग्रामीण वाठारांत ईको-पर्यटनाचेर भर दिल्लो आसा, अशेंय उपमुख्यमंत्र्यान सांगले.

सुवाळ्याक आमदार श्री. क्लाफासियो डायस, विल्फ्रेड डिसा, आलेक्स रेजिनाल्ड, दक्षिण गोंय जिल्हाधिकारी श्री. अजीत रॉय,अतिरिक्त जिल्हाधिकारी सुरेंद्र नाईक, पुलीस अधिक्षक अरविंद गावस, नगराध्यक्ष पुजा नाईक, नगरसेवक, स्वातंत्र्य सैनिक, जिल्हा पंचायत वांगडी, सरपंच,पंच, नागरीक आनी विद्यार्थी हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार शाळांच्या भुरग्यांनी देशभक्ती गीतां आनी सांस्कृतीक कार्यक्रम सादर केलो.

श्री. अनिल पै हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ जाॅआ/ विगां/ 2020/77